# बूथ स्तरीय अधिकारी
# ई-पत्रिका




*Representation of Interaction between the Baiga Community

**Volume 7**

# समावेशक भारतीय वेंचणूक

बैगा जमात ही विशेश रुपान अशक्त आदिवासी गटांतली (पी.व्ही.टी.जी.) एक आसा. छत्तीसगढ, झारखण्ड, बिहार, ओडिशा, पश्चीम बंगाल, मध्य प्रदेश आनी उत्तर प्रदेश ह्या वाठारांनी ही जमात रावता.

परंपरेन, बैगा लोकांची अर्द-भटकी जिवनशैली आसा आनी झूम कृशी (स्लॅश एण्ड बर्न) हें तांचें जगपा खातीरचें मुळावें माध्यम आसा.

विशेश म्हणल्यार, टॅटू काडप हो बैगा संस्कृतायेचो म्हत्वाचो भाग आसा, दरेकी पिरायेक आनी शरिराच्या भागाक, प्रसंगा खातीर खास टॅटू राखून दवरल्यात.




## संपादकीय समिती

एन. एन. बुटोलिया
वरिश्ठ प्रधान सचीव (मतदार वळेरी)

अशोक कुमार
संचालक (आयटी)

कुलदीप कुमार सहरावत
संचालक (प्रशिक्षण), आय.आय. आय.डी.ई.एम.

एस. सुंदर राजन
संचालक (ई.व्ही.एम)

दिपाली मसिरकर
संचालक (वेंचणूक नियोजन)

संतोष अजमेरा
संचालक (स्वीप) वांगडी संयोजक

## संपादकीय टीम

आर. के. सिंग
स्वीप समन्वयक

अनुज चांडक
जोड संचालक मिडीया (स्वीप)

रजनी उपाध्याय
संचारण सल्लागार

ईशा खान
ग्राफिक डिझायनर

# विशेश संक्षिप्त पुनरिक्षणा (एस.एस.आर.) वेळार ई.सी.आय चीं लक्ष केंद्रीत क्षेत्रां

- पारदर्शकतायेन तयार केल्ली मतदार वळेरी
- शुद्ध मतदार वळेरी
- अनुकूल मतदार वळेरी
- समावेशक मतदार वळेरी

# विशेश संक्षिप्त पुनरिक्षणाचो उद्देश्य

- सगळ्या पात्र नागरिकांक प्रचार पद्दतीन मतदार वळेरेंत नोंदणीकृत करप.
- संभावीत मतदारां कडल्यान फॉर्म 6 (अग्रीम अर्जीपत्रां) एकठांय करप.
- मतदार वळेरेंतल्या मतदारांचे लोकसंख्येचें प्रमाण जनगणने प्रमाणें अदमाशीत लोकसंख्येच्या 18+ पिराय गटा कडेन तुळा करप.
- मतदार वळेरेचेर लिंग प्रमाण जनगणनेचेर निर्धारीत केल्ल्या अदमाशीत लिंग प्रमाणा कडेन तुळा करप.
- मतदानाक पात्र थारपी विदेशांत रावपी भारतीयांचो आंकडो वाडोवप.
- फॉर्म-6 आनी फॉर्म-8 हातूंत मतदारां कडल्यान पर्याय घेतल्या उपरांत दरेकी राज्यांतल्या समाज कल्याण खात्यांतल्या 18 वर्सां आनी वयले पिरायेच्या दिव्यांगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या (पी.डब्ल्यू.डी.) डेटाच्या आदाराचेर मतदार वळेरेचेर पी.डब्ल्यू.डी. म्हूण खूण करप.
- उणें प्रतिनिधित्व मेळपी समाजांतल्या वांगड्यांचें नोंदणीकरण वाडोवप, देखीक विशेश रुपान अशक्त आदिवासी गट (पी.व्ही.टी.जी.), सॅक्स वर्कर (शिंदळकी वेवसाय करपी), तृतीय पंथी, बेघर आनी भटके आनी हेर.
- एका परस नोंदी आनी मरण आयिल्ल्या मतदारांचीं नांवां काडून मतदार वळेरेचें शुद्धीकरण.

### 1

तरणाट्यांचें नोंदणीकरण (18-19 पिराय गटांतल्या नव्यानूच पात्र थारिल्ल्या तरणाट्यां सयत)

संक्षिप्त पुनरिक्षणा आदीं कॅलेंडरांत युवा मतदार महोत्सवाचो आसपाव करप.

### 2

बायलांचें नोंदणीकरण

नव्याच लग्न जाल्ल्या बायलांचें, गृहिणींचें आनी शारी वाठारांनी कामगार म्हणून कारखान्यांनी, लघू उद्देगीक सुविधांनी काम करपी बायलांचें नांव नोंदणीकृत करपाचेर लक्ष केंद्रीत करप.

### 3

दिव्यांगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचें नोंदणीकरण

तांकां मतदार वळेरेंत नोंदणीकरणा खातीर मजत करुंक आनी सुविधा दिवंक बी.एल.ओ. नोंदणी पुस्तकाचेर तांच्या दिव्यांगत्वा विशींची माहिती सांबाळप.

### 4

नोंदणीकरण वाडोवंक मुखार सरपाच्यो पद्दती (आवटरीच मॅथड)

बी.एल.ओ.नी एस.एस.आर. संबंदीत म्हत्वाचे माहितीचो/ कार्यावळींचो प्रसार आपल्या सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मांचेर घालूंक जाय.

सोशल मिडियाचेर सॅल्फी मोहीम आनी बी.एल.ओ. वांगडा सॅल्फी हेदोन सोशल मिडिया वापरुन केल्ले पर्याय आसात.

# बूथ स्तरीय अधिकार्यांची अंमलबजावणी आंखणी

- बूथ स्तराचेर विश्लेशण
- घरा-घरांतलें सर्वेक्षण
- बूथ स्तराचेर उणें प्रतिनिधित्व मेळपी समाजांक आनी गटांक सोदप
- मरण आयिल्ल्या/जागो बदलिल्ल्या/प्रतिरुपी मतदारांक काडूंक तांकां सोदून काडप
- मतदान केंद्राचे सुवातेचें स्वता वचून सत्यापन करप
- तरणाट्यांच्या आनी बायलांच्या नोंदणीकरणाचेर खास भर दिवन अंतर सोदून काडपाचें विश्लेशण

## घरा-घरांतल्या फिल्ड सर्वेक्षणाचें म्हत्व

- मतदार वळेरेंतली नोंदी अद्यावत करुंक डेटा एकठांवप
- अजुनूय नोंदणी करुंक नाशिल्ले पात्र नागरीक (01.10.2024 दिसा मेरेन पात्र)
- वर्सांतल्या पात्र थारपी तीनतारखांक धरुन, संभाव्य मतदारांचें अग्रीम फॉर्मां एकठांय करप
- अनेक नोंदी काडप, मरण आयिल्ले मतदार आनी कायमस्वरुपी स्थलांतरीत जाल्ल्या मतदारांक काडप







घरा-घरांत सर्वेक्षण करपी बी.एल.ओ.ची झलक

# दरेका बी.एल.ओ.चो लक्षीत केंद्र:




- वोटर हॅल्पलायन एप, सक्षम एप, वोटर सर्व्हीस पोर्टल, आनी 1950 हॅल्पलायन नंबर सारकेल्ल्या वेग-वेगळ्या एपांची प्रसिद्धी करप आनी लोकां मदीं विश्वास निर्माण करूंक थेट एपाचेर माहिती भरूंक बी.एल.ओ. एपाचो वापर करप.
- मतदारां खातीर मार्गदर्शक जावचें आनी वेंचणूक होआनंददायी अणभव हाची तांकां जाणीव करून दिवची
- राजकी पक्षांनी नेमिल्ल्या बूथ स्तरीय एजण्टां कडेन समन्वय
- मतदारां खातीर बी.एल.ओ हो पयलो संपर्काचो व्यक्ती थारिल्ल्यान तांचे कडेन इश्टागतीन वागचें आनी तांकां संवकळीचें करचें

# एस.एस.आर वेळार कार्यावळी

## मतदार वळेरेच्या निमाण्या पुनरिक्षणा कार्या खातीर दोन टप्पे आसात: पुनरिक्षण-पूर्वउपक्रम आनी पुनरिक्षण उपक्रम.

**पुनरिक्षणा आदले उपक्रम**

- मतदान केंद्रांच्या रॅशनलायजेशन / पुनर्वेवस्थे खातीर सुचोवणी
- हावस टू हावस (एच2एच) सत्यापन









*Glimpses of BLO conducting activities*

**म्हत्वाचें: उच्च दर्जाच्यो वेंचणूक वळेरी तयार करपा खातीर पुनरिक्षणा पयलींच्या कार्यावळींक पुनरिक्षण कृतीं प्रमाणें म्हत्व दिवंक जाय.**

# विसरचे न्हय

## मतदान केंद्राचें सुवेवस्थीकरण करतना

मतदान केंद्रांच्यो सुवाती आनी संबंदीत वेंचणूक वळेरी हांचें 100 % प्रत्यक्ष सत्यापन

बी.एल.ओ. अॅपांत बुथाचो अक्षांश आनी रेखांश हांचे सयत मतदान केंद्राचे फोटो आनी थळाची म्हायती अपलोड करपा खातीर तांच्या नोंदणीकृत सॅलफोन क्रमांकाचो वापर

सगळ्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांचें आनी शेजार्यांचें एका विभागांत गटीकरण करप आनी ईआर आनी ई.पी.आय.सी. तल्या नाम्यांचें एकसारकेंपण दवरप हीं मतदान केंद्रांच्या सुवेवस्थीकरणाचीं दोन अतिरिक्त ध्येयां आसात

## दरेकी बी.एल.ओ.न सकयल दिल्ले पुनरिक्षण तपासणेची वळेरी सांबाळपाचें थारावंक जाय:

- खंयचेंच कुटुंब विभागूंक ना आनी सगळ्या नोंदणीकृत कुटुंब वांगड्यांक ई.आर. च्या एकाच विभागांत आनी एकाच भागांत दवरल्यात.
- योग्य घर क्रमांक दाखोवपा खातीर विभाग आनी भागांची योग्य बांदावळ आनी पुनरिक्षण.
- सोडून गेल्ल्या/संभाव्य मतदारांच्या समावेशा खातीर फॉर्म एकठांय करप.
- बी.एल.ओ. अॅप वापरून ई.सी.आय. मानकां प्रमाणें बुथांचो योग्य दर्जेदार फोटो.
- एका परस अदीक नोंदी\मरण आयिल्ले मतदार\ कायमस्वरुपी स्थलांतरीत जाल्ले मतदार 100% काडून उडोवप



# पुनरिक्षण उपक्रम

## वेंचणूक वळेरेंतल्यान चुकीच्या रितीन काडून उडोवपा आड राखण/ तपासणी वळेरी:

- नोंदणीकृत मरण आसल्यार मरण प्रमाणपत्रा वांगडा फॉर्म -7 सादर केल्या उपरांतच काडून उडोवप जातलें.
- चुकीचें काडून उडोवप टाळपा खातीर, कुटुंबांतल्या वांगड्यां कडल्यान\नातेदार वा बीएलओ कडल्यान अहवाल गरजेचो आसा. मरणाच्या आदाराचेर काडून उडोवप फकत फॉर्म- 7 मेळ्ळ्या उपरांतच करतले.
- क्षेत्रीय सत्यापन करतना, अहवालांत स्थलांतर /मरणाची स्थिती, कशी आसूं येता, ते प्रमाणें विशिश्ट टिप्पणी करची.
- काडून उडोवपा खातीर बी.एल.ओ. चो अहवाल गरजेचो आसतलो आनी ते खातीर ताणें \ तिणें जतनायेन योग्य अहवाल दिवंक जाय.
- फॉर्म-7 नासतना आनी सत्यापनाचे योग्य प्रक्रियेक पाळो दिनासतना, नांव काडूंक जावचें ना.

| अनु. क्र. | पुनरिक्षण उपक्रम | काळ |
|---|---|---|
| 1. | विशेश मोहीमेच्यो तारखो | दावे आनी हरकती घेवपाच्या काळा भितरले दोन शेनवार आनी दोन आयतार (सी.ई.ओ. न थारावपाचें) |

**म्हत्वाचें: एस.एस.आर. च्या प्रचारा खातीर बी.एल.ओ. नियुक्त केल्ल्या सुवातींचेर बॅनर लावंक शकता आनी सोशल मिडिया गट तयार करंक शकता.**

## दावे आनी हरकतीं खातीर याद दवरपाचें फॉर्म:

### फॉर्म 6
नव्या मतदारा खातीर अर्जाचो फॉर्म

### फॉर्म 6 ए
परदेशांतल्या भारतीय मतदारा वरवीं मतदार वळेरेंत आसपाव करपा खातीर अर्ज

### फॉर्म 6 बी
वेंचणूक वळेरी प्रमाणीकरणा खातीर आधार क्रमांकाचें माहिती पत्र (पर्यायी)

### फॉर्म 7
सद्याच्या वेंचणूक वळेरेंत प्रस्तावीत आसपाव/ नांव काडून उडोवपा खातीर हरकत घेवपा खातीर अर्ज

### फॉर्म 8
मतदारसंघा भितर . तशेंच मतदारसंघा भायर राबितो स्थलांतरीत करपा खातीर अर्ज

सद्याचे वेंचणूक यादींत नोंदी दुरुस्त करप

बदललेलें ईपीआयसी जारी करप

पीडब्ल्यूडी म्हणून नोंद करपाची विनंती

# वास्तवीक कथा

## श्रीमती शांती यादव ही आंगणवाडी कर्मचारी आनी ती छत्तीसगढाच्या 56-सिहावा विधासभेच्या बूथ 45 चेर बी.एल. ओ. म्हणून सेवा दिता.

वेंचणुके संदर्भांतल्यो आपल्यो जापसालदारकी निभोवपा खातीर ती बी.एल.ओ एप वापरता. तिणें 18- 19 पिरायेच्या गटांतल्या व्यक्तीं कडल्यान नवे फॉर्म 6 अर्ज एकठांय करून दरेकी घराचें सर्वसमावेशक सर्वेक्षण केलां.



श्रीमती शांती यादव आयोगा कडल्यान “उत्कृश्ठ बी.एल.ओ” चो पुरस्कार स्विकारतना.

दाखल केल्ले वट्ट 13 फॉर्म 6 तिका प्राप्त जाले आनी तातूंतल्या 17 दिव्यांग व्यक्तींची वळख पटोवन मतदार वळेरेंत चिन्नांकीत केलें. एका बुथाचेर वट्ट 1234 मतदार आसात. जापसालदारकी आशिल्ल्या तिच्या क्षेत्रांत  कांय वाठारांनी आदीवासींचेर लक्ष केंद्रीत केल्लें आसा आनी नॅटवर्क कनॅक्टिव्हिटीचीं आव्हानां आसात.



श्रीमती शांती यादव कामाचेर आसतना

अशें आसलें तरीय, तिणें ल्हवू-ल्हवू वापरकर्त्यांचें आनी बीएलओ एपाचें नेमकें स्वरुप समजून घेतलें, जाका लागून नव्या मतदारांची नोंदणी करपाची प्रक्रिया सुवेवस्थीत जाली. तांकां 25 ऑगस्ट 2023 दिसा रायपूर, छत्तीसगढ हांगा आयोजीत केल्ल्या राज्य पांवड्या वयल्या मतदार महोत्सवांत आयोगा वरवीं “उत्कृश्ठ बी.एल.ओ.” म्हणून सन्मानीत केल्यात.



श्रीमती शांती यादव बुथा मुखार





श्रीमती समिता गोस्वामी बी.एल.ओ. चीं कर्तव्यां निभयतना



श्रीमती समिता गोस्वामी आयोगा कडल्यान "उत्कृश्ठ बी.एल.ओ." चो पुरस्कार स्विकारतना

## श्रीमती समिता गोस्वामी लोर्मी विधानसभा, जिल्लो मुंगेली, छत्तीसगढच्या, देवरहट, मतदान केंद्र क्रमांक 255 चेर बी.एल.ओ म्हणून सेवा दितात.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्यांत ती आंगणवाडी कर्मचारी आनी फाटलीं 5 वर्सां बी. एल. ओ. म्हणून काम करतात. स्वताच्या मतदार केंद्रांतल्या घरां घरांक भेट दिली आनी मतदारांनी वेंचणूक प्रक्रियेंत सक्रीय रितीन वांटेकार जावचे म्हणून गांवांनी अतिरिक्त कॅम्प आयोजीत केले. लावडस्पिकरा वयल्यान लोकांक निवेदन केलें आनी भौसान नोंदणीकृत जावचे म्हणून घरा घरांनी वचून विनंती केली. सगळ्या फॉर्मांचें तांणी येसस्वी रितीन डिजिटायजेशन केलां आनी वेळा पत्रकांतलीं फुडलीं सगळीं कामां पुराय केल्यांत. तांच्या ह्या कार्याची दखल घेवन, भारत वेंचणूक आयोगान 25 ऑगस्ट 2023 दिसा रायपूर, छत्तीसगढ हांगा आयोजीत केल्ल्या राज्य पांवड्या वयल्या मतदार महोत्सव 2023 त तांकां सन्मानीत केली.




# बातो बातो में

## बी.एल.ओ. कडेन संवाद



ब्रीज गोपाळ चतुर्वेदी हे प्राथमीक शिक्षक आनी मध्य प्रदेशांतल्या न्यू बस्ती, तक्टा, टिकमगढ तेहसील हातूंतल्या 13 आंगणवाडीं खातीर ते बी.एल.ओ. आसात.

बी.एल.ओ. म्हणून म्हजे भुमिके कडेन हांव वेगळ्या उद्देशान पळयतां आनी म्हजे जापसालदारकेक विशेशताय हाडपाचें उद्दिश्ट आसा. म्हज्या मतदारसंघांतल्या मतदारां कडेन रचनात्मक रितीन जोडून तांकां मतदान करूंक प्रेरणा दिवंक हांव समर्पीत आसां. संगीत आनी गायना वटेन म्हजी रुची आशिल्ल्यान, हांव म्हत्वाची माहिती पावोवपा खातीर संगिताचंय माध्यम वापरतां. हांव गितां रचतां आनी गायतां आनी तातूंतल्यान मतदार लागीं येवपा सयत शिक्षीत जाता. हे पद्दतीक लागून म्हज्या कर्तव्यांक यश मेळ्ळां आनी मतदारां मदीं म्हजी लोकप्रियताय वाडल्या. हांव घरा-घरांक भेट दितां तेन्ना, म्हाका आदर आनी सहकार्य मेळटा. म्हजे आगळे-वेगळे पद्दतीक लागून, म्हजी बी.एल.ओ. जापसालदारकी पुराय करूंक म्हाका मजत जाता, तातूंत नव्या मतदारांचो आसपाव करप, मरणआयिल्ल्या मतदारांचीं नांवां काडप आनी गैरहजर आशिल्ल्या मतदारांचीं नांवां अद्यावत करप हांचो आसपाव आसा. हांव ह्या आदार दिवपी वातावरणाक लागून,म्हज्या मतदान केंद्राची मतदार वळेरी अचूक आनी त्रुटी मुक्त दवरूंक शकतां.



Facilitated by Commission in Bhopal on 05.09.23







भारत वेंचणूक आयोगान

सचिन रमेश तेंडुलकर,

भारत रत्न पुरस्कार प्राप्त,

हांकां आपलो

‘नॅशनल आयकॉन’

केला